# सॅट/नॅट परिक्षा इत्सूक उमेदवारांखातीर मार्गदर्शन सत्र

ता. 18 फेब्रुवारी 2020

नॅशनल टेस्टिंग एजन्सी आनी पुणे विद्यापिठान जून 2020 त आयोजीत केल्ली संगणक आदारीत युजीसी-नॅट आनी सॅट परिक्षा दिवपाक इत्सूक आशिल्ल्या उमेदवारांखातीर उच्च शिक्षण संचालनालया वतीन मार्गदर्शन सत्र आयोजीत करपात येता.

नॅट/सॅट मार्गदर्शन सत्राचो लाव घेवपाक इत्सूक आशिल्ल्या उमेदवारांनी https://forms.gle/d.JtBmzqRpzuBZbE6. चेर गुगल फॉर्मातल्यान आपली म्हायती भरची. जांणी ह्या पयलीच्या मार्गदर्शन सत्रांक नांवनोंदणी केल्ली आनी जांचे कडेन उच्च शिक्षण संचालनालयान दिल्ले नांवनोंदणी कार्ड आसा, तांणीय गुगल फॉर्म भरपाक जाय, पुण तांका नोंदणी शुल्कात सूट मेळटली. सर्वसामान्य/ओबीसी उमेदवारांखातीर 1000/- रूपया, जाल्यार ह्या पयली नोंदणी केल्ल्या आनी मार्गदर्शन सत्राक हजर राविल्ल्यांक 300/- रूपया, एससी/एसटी/पीएच उमेदवारां खातीर 500/- आनी ह्या पयली नोंदणी केल्ल्या आनी मार्गदर्शन सत्राक हजर राविल्ल्यांक 250/- रूपया शुल्क आसा. विद्यार्थी वर्गाखातीर 250/-रूपया आनी ह्या पयली नोंदणी केल्ल्या आनी मार्गदर्शन सत्राक हजर राविल्ल्यांक 150/- रूपया शुल्क आसा. एससी/एसटी/पीएच विद्यार्थ्यांखातीर 150/- आनी ह्या पयली नोंदणी केल्ल्या आनी मार्गदर्शन सत्राक हजर राविल्ल्यांक 100/- रूपया शुल्क आसा.

पुराय म्हायती दिवपाची निमणी तारीख 28 फेब्रुवारी 2020 आसा. उपरांत आयिल्ल्या अर्जांचो विचार जावचो ना. नोंदणी शुल्क रोख/डिमांड ड्राफ्टान उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या नांवान भरपाक जाय. अर्ज, जातीचो दाखलो, विद्यार्थ्याचे वळखपत्र, नोंदणी शुल्क भरिल्ल्याची पावती आनी हेर म्हायती तपासल्या उपरांत 28 फेब्रुवारी 2020 सावन उच्च शिक्षण संचालनालय , सांख्यिकी विभाग, दुसरो माळो, एस7-ए एसीईआरटी इमारत, पर्वरी हांगा नोंदणी कार्ड जारी करतले. नोंदणी कार्डा खातीर दोन फोटो दिवपाक जाय. नोंदणी कार्ड व्हरपाची निमणी तारीख 6 मार्च 2020 आसा. पीजी अभ्यासक्रमाच्या निमण्या वर्साक आशिल्लेय विद्यार्थी अर्ज करपाक शकता.

मार्च, एप्रिल आनी मे म्हयन्यात उत्तर आनी दक्षीण गोंयातल्या विद्यार्थ्यांखातीर वेगळी मार्गदर्शन सत्रां जातली. विशयांप्रमाण मार्गदर्शकांची नांवां आनी हेर म्हायती www.Dhe.Goa.gov.in. चेर अपलोड करतले. विद्यार्थी संबंदीत विशयाच्या मार्गदर्शकाकडेन संपर्क करपाक शकतले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/151

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA